**Panaji National 17th January 2025 8.40am**

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लींत भारत मोबिलिटी ग्लोबल एक्स्पो 2025 चें उक्तावण करतले.
- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज राष्ट्रपती भवनांत राष्ट्रीय खेळां पुरस्कार 2024 भेटयतल्यो.
- दिल्ली विधानसभा वेंचणुके खातीर उमेदवारी अर्ज दाखल करपाचो आयज निमाणो दीस.
- केंद्रीय कर्मचारी आनी निवृत्तीवेतनधारकां खातीर आठवो पगार आयोग स्थापन करपाक सरकारान मान्यताय दिल्या.
- केंद्रीय मंत्रीमंडळान काल आंध्र प्रदेशांतल्या श्रीहरिकोटा हांगाच्या इसरोच्या सतीश धवन अंतराळ केंद्रात तिसरे लाँच पॅड स्थापन करपाक मान्यताय दिल्या.
- खो-खो विश्वचषक-2025 सर्तींत भारताच्या दादले आनी बायलांच्या दोनूय पंगडांनी आपापल्या वर्गांतल्या मॅचींनी उत्कृश्ट कामगिरी करून क्वार्टर फायनलींत सुवात मेळयल्या.

PM-BHARAT GLOBAL EXPO - 65

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लींत भारत मोबिलिटी ग्लोबल एक्स्पो 2025 चें उक्तावण करतले. स दिसांच्या ह्या एक्स्पोंत णव वयर शो, 20 परस चड परिशदो आनी मंडप आसतले. ते वांगडाच एक्स्पोंत उद्देग आनी प्रादेशिक पांवड्या मदलो सहकार सक्षम करपा खातीर मोबिलिटी क्षेत्रांतलीं धोरणां आनी उपक्रम दाखोवपा खातीर राज्य सत्रांय आसतलीं. अंदूच्या एक्स्पोंत संवसारीक म्हत्वाचेर खासा भर दितले आनी संवसारभरांतल्यान प्रदर्शक आनी भेटीदार वांटो घेतले.

PREZ - NATIONAL SPORTS AWARD - 160

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज राष्ट्रपती भवनांत राष्ट्रीय खेळां पुरस्कार 2024 भेटयतल्यो. संवसारीक बुध्दिबळ चॅम्पियन डी.गुकेश, पॅरिस ऑलिंपिकांत दोट्टी पदक मेळिल्लें मनु भाकर, भारतीय हॉकी पंगडाचो कर्णधार हरमनप्रीत सिंग आनी पॅरिस पॅरालिंपिकात भांगरा पदक विजेतो प्रवीण कुमार हांकां मेजर ध्यान चंद खेल रत्न पुरस्कार भेटयतले. फाटल्या चार वर्साच्या काळांत खेळां मळार खेळगड्यान केल्ल्या अदभूत आनी उत्कृश्ट कामगिरी खातीर हो पुरस्कार दितात. 32 खेळगड्यांक अर्जुन पुरस्कार दितले. तातूंत एथलीट ज्योती याराजी आनी अन्नू रानी, बॉक्सर नीतू आनी स्वीटी, बुध्दिबळ खेळगडी वंटीका अग्रवाल, हॉकी खेळगडी सलीमा तेते, अभिषेक, संजय, जर्मनप्रीत सिंग आनी सुखजीत सिंग हांचो आस्पाव जाता. तशेंच पॅरा आर्चर राकेश कुमार, पॅरा एथलीट प्रीती पाल, जीवनजी दीप्ती, अजीत सिंग आनी सचिन खिलदी हांकां अर्जुन पुरस्कार मेळटलो.

पॅरा शूटिंग कोच सुभाष राणा, शूटिंग कोच दीपाली देशपांडे, हॉकी कोच संदीप सांगवान, बॅडमिंटन कोच एस मुरलीधरन आनी फुटबॉल कोच अरमांड आग्नेलो कुलासो हांकां द्रोणाचार्य पुरस्कार भेटयतले.

MORN. PM - SVAMITVA SCHEME - 50

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां व्हिडियो कॉन्फरन्सिंग वरवीं धा राज्यां आणि दोन केंद्रशासित प्रदेशांतल्या 50 हजारां वयर गांवांतल्या मालमत्ता मालकांक स्वामीत्व येवजणे खाला 65 लाखां वयर मालमत्ता कार्डां वितरित करतले. प्रधानमंत्र्यानि सुरू केल्ल्या येवजणेचो हेत सर्वेक्षणा खातीर प्रगत ड्रोन तंत्रज्ञानाच्या माध्यमांतल्यान घरांक हक्कांची नोंद प्रदान करून ग्रामीण भागात आर्थिक विकासाक चालना दिवप हो आसा.

DELHI NOMINATION - 50

दिल्ली विधानसभा वेंचणुके खातीर उमेदवारी अर्ज दाखल करपाचो आयज निमाणो दीस. आतां मेरेन वट्ट आठशें 41 उमेदवारी अर्ज दाखल जाल्यात. नामांकन प्रक्रिया ह्या म्हयन्याचे 10 तारखेक सुरू जाल्ली, जाल्यार उमेदवार सोमारा मेरेन उमेदवारी फाटीं घेवंक शकतात. दिल्ली विधानसभा वेंचणुके खातीर फुडल्या म्हयन्याच्या 5 तारखेक मतदान जातलें आनी मतमेजणी 8 फेब्रुवारीक जातली.

DELHI- BJP SEAT DIVISION - 65

दिल्ली विधानसभेच्या 70 जाग्यां पैकी भाजपा फक्त 68 जाग्यांचेर वेंचणूक लढयतली. भाजपान उरिल्ले दोन जागे राष्ट्रीय लोकशाही आघाडी (एनडीए) घटक पक्षांखातीर - जनता दल (संयुक्त) आणि लोक जनशक्ती पार्टी (रामविलास) खातीर सोडल्या.भाजपचे राष्ट्रीय सचिव अरुण सिंग हाणी काल प्रसार माध्यमांक हे विशीं म्हायती दिली. बुरारी विधानसभा जाग्यावेल्यान जनता दल (युनायटेड) आनी लोक जनशक्ति पार्टी (रामविलास) चे उमेदवार देवली मतदारसंघातलयान लढो दितले अशें तांणी सांगलें.

VP – 40

उपराष्ट्रपती जगदीप धनखड आयच्यान लक्षद्वीपच्या तीन दिसांच्या भेटेर वतले. पदभार स्वीकारल्या उपरांत उपराष्ट्रपतीची ही पयलीच केंद्रशासित प्रदेशाक भेट आसतली. ह्या काळांत धनखर भौशीक कार्यावळींक हाजीर रावतले आनी वेगवेगळ्या प्रकल्पांचें उक्तावण करतले. तशेंच उपराष्ट्रपती आप मजत गटांच्या वांगड्यां कडेन आनी लावार्थ्यां कडेन संवाद सादतले.

MORN. REPUBLIC DAY-CHIEF GUEST - 100

अंदूं 76व्या प्रजासत्ताक दीस सुवाळ्यांत इंडोनेशियाचे राष्ट्राध्यक्ष प्रबोवो सुबियांतो मुखेल सोयरे आसतले. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या आमंत्रणाचेर राष्ट्राध्यक्ष सुबियांतो 25 आनी 26 जानेवारीक भारताक भेट दितले. परराश्ट्र मंत्रालयाच्या म्हणण्या प्रमाण ऑक्टोबर 2024 वर्सा पदभार स्वीकारल्या उपरांत राष्ट्राध्यक्ष प्रबोवोची हांची हि पयलीच भारत भेट आसतली. ताच्या ह्या भेटेक लागून दोनूय देशांच्या फुडाऱ्यांक द्विपक्षीय संबंदांचो पुराय नियाळ घेवपाची संद मेळटली तशेंच परस्पर हितसंबंद आशिल्ल्या प्रादेशिक आनी जागतीक प्रस्नांचेर चर्चा करपाची संद मेळटली.भारत आनी इंडोनेशिया मदि बरे आनी इश्टागतीचे संबंद आसात. एक व्यापक धोरणात्मक भागीदार म्हणून, इंडोनेशिया हो भारताच्या ॲक्ट ईस्ट धोरणाचो आणि हिंद महासागर प्रदेशाचो एक महत्त्वाचो आधारस्तंभ आसा.

Pay Commission – 125

केंद्र सरकाराच्या कर्मचाऱ्यां खातीर आनी निवृत्तीवेतनधारकां खातीर आठवो वेतन आयोग स्थापन करपाची घोशणा सरकारान काल केली. हे संबंदी एक घोशणा केंद्रीय म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी नवी दिल्लींत केली. मंत्रीमंडळाच्या ह्या निर्णया विशीं ते मिडियाक म्हायती दिताले. सातव्या पगार आयोगाची मुजत 2026 वर्सा सोंपपाची आसा आनी आठव्या पगार आयोगाची थापणूक जाल्ल्यान आतां पगार पॅनेलाच्यो शिफारशी मेळपाक फावो तो वेळ मेळटलो अशें मंत्र्यांनी सांगलें. आयोगाच्या अध्यक्ष आनी दोन वांगड्यांची नेमणूक बेगीन जातली अशें तांणी सांगलें.

आठव्या वेतन आयोगाच्या ह्या निर्णयाक लागून लोकांच्या जिणेचो दर्जो सुदारतलो आनी उपभोग वाडटलो अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत मोदी हांणी विकसीत भारत उबारपा खातीर वावुरपी सगल्या सरकारी कर्मचाऱ्यांच्या यत्नांची तोखणाय केल्या.

८ व्या केंद्रीय वेतन आयोगाच्या स्थापनेची घोषणा केल्याखातीर रेल्वे संघटनांच्या फुडाऱ्यांनी केंद्र सरकाराचे उपकार मानल्यात.

ISRO – 120

केंद्रीय मंत्रीमंडळान काल आंध्र प्रदेशांतल्या श्रीहरिकोटा हांगाच्या इसरोच्या सतीश धवन अंतराळ केंद्रात तिसरे लॉंच पॅड - टीएलपी स्थापन करपाक मान्यताय दिल्या. ह्या टीएलपी प्रकल्पांत इस्रोच्या फुडले पिळगेंतल्या प्रक्षेपण वाहनां खातीर श्रीहरिकोटा हांगा मुळावी बांदावळ स्थापन करप गरजेचें आसा. हाका लागून सतीश धवन अंतराळ केंद्रात अस्तित्वांत आशिल्ल्या दोन लॉंच पॅडां खातीर तिसरो पर्याय मेळटलो. टीएलपी प्रकल्पाक लागून चड प्रक्षेपण क्षमता मेळटली आनी भारतीय अंतरिक्ष परिसंस्था यंत्रणा घटमूट जातली. हाका लागून मानवयुक्त अंतरिक्षयान सोडपाची आनी अंतरिक्ष संशोधन मिशन राबवपाचीय राश्ट्रीय तांक वाडटली. नवी दिल्लींत जाल्ले केंद्रीय मंत्रीमंडळ बसके उपरांत म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें, सुमार चार हजार कोटी रुपया खर्च करून तिसरो लॉंच पॅड स्थापन करपाक मान्यताय मेळ्ळ्या. भारताच्या अंतरिक्ष मुळाव्या साधनां खातीर हो एक म्हत्वाचो वाटचिरो थारतलो.

आय एस एल - 40

इंडियन सुपर लीग फुटबॉलसर्तीत आयज जमशेदपूरात जमशेदपूर फुटबॉल क्लब आनी मोहन बागान सुपर जायंट्स पंगडामडी खेळ जातलो. हो खेळ सांजे ७.३०क सुरू जातलो.

काल राती नवी दिल्लीत पंजाब एफसी आनी मुंबई सिटी फुटबॉल क्लब पंगडामदलो खेळ 1 आड 1 असो बादाबाद उरलो.

Khokho - 60

खो-खो विश्वचषक-2025 सर्तींत भारताच्या दादले आनी बायलांच्या दोनूय पंगडांनी आपापल्या वर्गांतल्या मॅचींनी उत्कृश्ट कामगिरी करून क्वार्टर फायनलींत सुवात मेळयल्या. ह्या जैताक लागून दोनूय पंगडांनी आपापल्या गटांतय पयली सुवात मेळयली.

काल इंदिरा गांधी इंडोर स्टेडियमात भूतानाचेर 71-32 अशे घसघशीत जैत मेळोवन येजमान भारतीय दादल्यांच्या पंगडान क्वार्टर फायनलींत प्रवेश केलो.हाचे आदीं भारतीय बायलां पंगडान मलेशियाचेर 100-20 अशा व्हड फरकान जैत मेळयलें.